**मुख्यमंत्र्या हस्तूकीं आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपुर्ण गोंय मोहिमेचो शुभारंभ**

ता. 1 ऑक्टोबर 2020

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंय राज्याच्या अर्थीक विकासाखातीर लोकांनी आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपूर्ण गोंय मोहिमेत सहभागी जावपाचो उलो मारला. मुख्यमंत्री आयज  गोंय राज्याच्या अर्थीक वाडिखातीर चालू केल्ल्या आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपूर्ण गोंय मोहिमेचो शुभारंभ केले उपरांत उलयताले.

राज्यातल्या ग्रामीण वाठारांच्या अर्थीक उदरगतीखातीर ग्रामपंचायतीनी वेगवेगळ्यो उपाय येवजणो चालीक लावपाची गरज आसा. गांव आत्मनिर्भर जाले बगर राज्याचो विकास जावप शक्य ना. ग्रामीण वाठारांच्या विकासाखातीर सगळ्या पंच वांगड्यांनी ह्या मोहिमेत वाटेकार जावपाची गरज आसा. वेगवेगळे उपक्रम आनी येवजणो राबोवन उत्पादकता वाडोवपाची आवश्यकता आसा आनी त्या खातीर लोकांचो सहभाग म्हत्वाचो आसा, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगले.

आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपूर्ण गोंय कार्यक्रमाखाला पंचायतीनी केल्ल्या प्रगतीचो प्रत्येक म्हयन्यात नियाळ घेवपात येतलो आनी  यशस्वीरित्या कार्यक्रमाची अंमलबजावणी करपी पंचायतींक पुरस्कांर भेटोवपात येतले, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगले.

मुख्यमंत्र्यान आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपूर्ण गोंय मोहिमेच्या कृती आराखड्याच्या पयल्या टप्प्याचे मुख्य सचीव श्री. परिमल राय आनी गोंय भौशीक प्रशासन आनी ग्रामीण विकास संस्थेचे संचालक श्री. मॅथ्यू सॅम्युअल हांच्या उपस्थितीत शुभारंभ केलो.

पंचायतमंत्री श्री. माविन गुदिन्हो हांणी आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपूर्ण गोंय मोहिमेचो गोंयांत शुभारंभ जाल्ले खातीर समाधान उकतावन ह्या मोहिमेच्या माध्यमातल्यान ग्रामीण वाठारांचो विकास जावपाक मदत जातली, अशें सांगले.

आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपूर्ण गोंय मोहिमेच्या  कृती आराखड्यात शेती, गोरवां सांबाळ, युवक, ज्येश्ट नागरिक, बायलां आनी आप मजत गट, पर्यटन, नुस्तेमारी, सैमिक साधनसंपत्ती आनी हेर येजणांचो आसपाव आसा.

उच्च शिक्षण संचालक हांणी श्री. प्रसाद लोलयेकर हांणी कार्यक्रमाची म्हायती दिली. गीपार्डा चे प्रशिक्षण संचालक श्री. मायकल डिसौजा हांणी निमणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/514

**DI/NB/AXP/CR/AN/2020/409**

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA